23 February 2025 सकाळी - 7.25

## आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा

सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भारतांतल्या आनी परदेशांतल्या लोकां कडे आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 119वो भाग आसतलो. हो कार्यक्रम पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्कार,आकाशवाणी न्यूज संकेतथळार आनी न्यूजऑनएअर मोबायल अप्पाचेर प्रसारीत जातलो. तशेंच आकाशवाणी न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चन्नलांचेर ताचें थेट प्रक्षेपण जातलें. हिंदी प्रसारणा उपरांत आकाशवाणी रोखडोच प्रादेशिक भाशांनी हो कार्यक्रम प्रसारीत करतले.

----------------------------------------

गोंयचे आठवे विधानसभेचें णववें अधिवेशन 24 मार्चा सावन सुरू जातलें. राज्यपाल श्रीधरन पिल्ले हांणी हे संबंदीची अधिसुचोवणी जारी केल्या. विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 24, 25 आनी 26 मार्च अशें तीन दीस चलतले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत अधिवेशनात 2025- 2026 वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले. केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर जाले उपरांत फेब्रुवारींत राज्याचो अर्थसंकल्प सादर करतात. पूण, अर्थसंकल्पाची तयारी आनी खात्याचे बसकेक लागून फेब्रुवारींच्या अधिवेशनांत अर्थसंकल्प सादर जावंक शकलो ना. राज्यांत कर वसुली वाडिल्ल्यान फाटल्या वर्सांच्या तुळेंत अंदूच्या अर्थसंकल्पांत खात्या खातीर व्हड तजवीज आसतली.

----------------------------------------

केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी काल, महाराष्ट्रांतल्या पुणें शारांत अस्तंत विभागीय मंडळाचे 27वे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. हे बसकेंत महाराष्ट्र, गुजरात आनी गोंयचे मुख्यमंत्री, दादरा आनी नगर हवेली आनी दमन

आनी दीवचे प्रशासक, महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री, अशे जायते मानेस्त हाजीर आशिल्ले. तशेंच केंद्रीय घर सचीव, आंतरराज्य परिशद सचिवालयाचे सचीव, सहकार मंत्रालयाचे सचीव, अस्तंत प्रदेशांतले राज्यांचे मुखेल सचीव, आनी राज्य आनी केंद्रीय मंत्रालय तशेच खात्यांचे हेर वरिश्ठ अधिकारीय, हे बसकेंत हाजीर आशिल्ले.

---------------------------------------

आपलो इतिहास आपणे केनाच विसरुंक जायना, तशेंच  प्रत्येक काळात लेखन जावपाक जाय, तशें केल्यारुच  ताचे दस्तएवज स्वरुपात बरोवप फुडल्या पिळगेक  त्या त्या वेळावेल्यो घडणुको, इतिहास समजुन घेवपाक  मजत करतली अशें मत  नामनेचे ज्येष्ठ कोंकणी कथाकार दामोदर मावजो हांणी व्यक्त केला. गोंयाभायर जे गोंयकार नोकरी वा वेवसाया निमतान गेले तांणी दुसऱ्या राज्यात  राबीतो करतना, थंयच्य जडण घडणीत योगदान दिले, आपणे कोकणीपण , गोंयकारपण तिगोवन ते रावले, परत गोंयांक आयले, आनी तांका अणभवाक  आयिल्ले खीण तांणी लेखन केले, अशें साहित्य आकादमी आनी उच्च शिक्षण संचालनालय तशेच  विद्या प्रबोधिनी शिक्षण संस्थेच्या जोडपालवान आयोजित  कोकणी साहित्यात,  देश - परदेश ह्या परीसंवादाच्या उक्तावण सुवाळ्यात  प्रमुख वक्ते म्हण उलयतl मावजो हांणी म्हणला.

---------------------------------------

६ हजार वर्सां आदलो 'रामायण ' ग्रंथ आयज लेगीत तितलोच नवोदिसता तांतूतली साहित्य मूल्यां नव्या लेखकांनी अभ्यासची अशें गोवा मराठी अकादमीचे अध्यक्ष प्रा. अनिल सामंत हांणी सांगले. तें आयज फोंडा वाचक सल्लागार समितीन घडोवन हाडिल्या डॉ. राम मनोहर लोहिया स्मृती व्याख्यानमाळेच्या पयल्या व्याख्यानांत 'रामायण महाकाव्यातील साहित्यमूल्य आणि जीवनमूल्य ' ह्या विशयाचेर उलयताले. वाचक सल्लागार समितीच्यो अध्यक्ष डॉ. विद्या प्रभुदेसाई हांणी ह्या कार्यावळीचे प्राप्ताविक केले. फोंडा विश्व हिंदू परिषद सभाघरात सुरू आशिल्ल्या ह्या ३ दिसांच्या व्याख्यानमाळेचे हें १९

वे वर्स. फाल्या आयतारा २३ तारखेक 'समाजभान येताना ' ह्या विशयाचेर डॉ. दत्ताराम भास्कर देसाई हांचे उलोवप जातले. सोमारा २४ फेब्रुवारी दिसा 'म्हजें व्यसन-वाचन आनी लेख' ह्या विशयाचेर माया खरंगटे हांचे उलोवप जातले.

----------------------------------------

राष्ट्रीय अविष्कार सप्तक कार्यावळींच्या दुसऱ्या पांवड्यार 'उदक संवर्धन ' विशयाचेर जावपी जागृताय कार्यावळींनी माध्यमिक शाळांनी वांटेकार जावंचे अशें आवाहन राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेच्यो संचालक सरिता गाडगीळ हांणी केलां. ह्या कार्यावळीच्या पयल्या पांवड्यार संबंध देशभर ' वृक्षारोपण ' कार्यावळीक चालना दिल्ली. उदकाचे संवर्धन , ताचो योग्य वापर , पावसाच्या उदकाची साठवण अश्या साबार विषयांचेर विद्यार्थ्यां खातीर कार्यावळी आंखच्यो आनी ३१ मार्च २०२५ मेरेन ताचो अहवाल गुगल लिंक वरवी अपलोड करचो अशें एस. सी आर. टीन सांगलां.

----------------------------------------

स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयाच्या शारिरीक शिक्षण आनी खेळां खात्यान 2024-25 शिक्षणीक वर्सा खातीर चवथी वर्सुकी खेळगड्यांची सर्त येसस्वीपणान घडोवन हाडली, ह्या सर्तीत वट्ट 96 विद्यार्थ्यांनी वेगवेगळ्या सर्तींनी सक्रीयपणान वांटो घेतिल्लो.
ह्या वेळार बोरी पंचायत सरपंच जयेश नायक हांच्या हातांतल्यान उक्तावण जालें. समारोप सुवाळ्यांत शिरोडा उच्च माध्यमिक शाळेचो शारिरीक शिक्षण शिक्षक कपिल भंडारी, डॉ. शेखर सावंत, डॉ. यशोधन खरडे आनी आशाय कोरडे हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार वेगवेगळ्या सर्तींनी जैतिवंत जाल्ले तशेंच चम्पियन विजेते एस. वाय. बी. कॉमचे साईराज गांवकार आनी टी. वाय. बी.कॉमच्या छाया मिराशीक अनुक्रमान उत्कृश्ट दादले आनी बायल खेळगडेचो पुरस्कार फावो जालो. खेळां कौशल्य, संघटनात्मक वावर आनी विद्यार्थ्यां मदीं स्पर्धात्मक भावना वाडोवपाक हो कार्यक्रम यशस्वी थारलो.

**इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे सात वरा जावन, वीस मिनिटांचेर. नमस्कार**

**-----------------------------------------**